<u>**नाटकांतल्या मेकपाचेर कार्यशाळेचे आयोजन**</u>

ता. 21 ऑक्टोबर 2019

कला आनी संस्कृती संचालनालयान ता. 11 ते 15 नोव्हेंबर 2019 मेरेन नाटकांतल्या मेकपाचेर कार्यशाळेचे आयोजन केला. ही कार्यशाळा दनपारां 2.30 ते सांजेची 5.30 वरांमेरेन संस्कृती भवन, पाटो- पणजी हांगा जातली. ह्या कार्यशाळेत गोंयांतले नामनेचे मेकअप कलाकार श्री. एकनाथ नाईक हे मार्गदर्शन करतले.

ह्या कार्यशाळेत वाटो घेवपाक इत्सूक आशिल्ल्यो नाट्य संस्थां, नाट्य कलाकांर, नाट्यकला विद्यार्थी आनी सर्वसामान्य व्यक्तिंनी आपले अर्ज खात्याच्या कार्यालयांत सुपूर्द करचे.

हे कार्यशाळे खातीर 100 रूपया प्रवेश शुल्क आसा आनी फकत 30 जाणांक प्रवेश दितले. विहित नमुन्यातले प्रवेश अर्ज ता. 21 ऑक्टोबर 2019 सावन संस्कृती भवन, पाटो- पणजी हांगा उपलब्ध आसात. अर्ज सुपूर्द करपाची निमणी तारीख 8 नोव्हेंबर 2019 आसा. चड म्हायती खातीर कला आनी संस्कृती संचालनालयात 0832-2404630 /633 /635 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/718